# प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजणेच्या विमाधारकांची संख्या वाडोवपाक मोहिम

ता. 14 डिसेंबर 2018
23 मार्गशीर्ष 1940

देशातल्या नागरीकांक आनी खास करून गरीब वर्गातल्या लोकांक सामाजिक सुरक्षा दिवपाखातीर भारत सरकारान प्रधानमंत्री जीवन ज्योती विमा येवजण, प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजण आनी अटल पेन्शन येवजण हयो तीन म्हत्वाकांक्षी सामाजिक सुरक्षा येवजणो सुरू केल्यात. 9 मे 2015 दिसा प्रधानमंत्र्याहस्तूकीं हया येवजणाचो शुभारंभ जालो आनी देशभर तांची अंमलबजावणी सुरू जाल्ली आसा.

देशातल्या एकंदर लोकसंख्येच्या चडशा नागरीकांक अपघात विमो कवच नासता आनी अशा नागरीकांचो अपघात विमो येवजणेखाला आस्पाव करपाच्या उद्देशान सरकारान प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजण सुरू केल्या. हया येवजणेचो वर्गणीदार जावपी 18 ते 70 वर्सा पिरायेच्या नागरीकांक वर्साक रू.12/- हप्तो आपल्या बचत बँक खात्यातल्यान भरपाक मेळटा. प्रत्येक वर्सा वर्सूकी नुतनीकरणाच्या वेळार वर्गणीदाराच्या सहमतीन बचत खात्यातल्यान ऑटो-डॅबीट वरवीं हप्तो भरपाची सोय आसा.

हे येवजणेखाला अपघाती मरण आयिल्ल्या आनी कायमचे पुराय अपंगत्व आयिल्ल्या विमाधारकाक रू. 2 लाखाचे आनी कायम अर्दकूटे अपंगत्व आयिल्ल्या विमाधारकाक रू. 1 लाखाचे विमा कवच 1 जून ते 31 मे मेरेनच्या एका वर्साच्या काळाखातीर उपलब्ध आसता. विम्याची सुविधा हया येवजणेखातीर बँकाकडेन संलग्न आशिल्ली भौशिक क्षेत्रातली जनरल इन्सूरन्स कंपनी वा खंयचीय हेर जनरल इन्सूरन्स कंपनीकडल्यान दितात. विमाधारकाच्या वतीन संबंदीत बँक येवजणेचो वेव्हार करता. वर्सूकी हप्तो वसूल करपाची जबाबदारी बँकेची आसता.

विमा कवच 1 जून ते 31 मे हया एका वर्साच्या काळाखातीर आसता. ते खातीर फुडल्या प्रत्येक वर्सा विमाधारकान विहित नमुन्यातले अर्ज भरून नुतनीकरण करचे पडटा. विमाधारकांक केन्नाय हया येवजणेतल्यान भायर सरपाक मेळटा तशेंच जाय तेन्ना परत वर्गणीदार जावपाक मेळटा.

18 ते 70 वर्सा पिरायेच्या सगळया वैयक्तीक बँक बचत खातेधारकांक संलग्न बँकेमार्फत हया येवजणेचो वर्गणीदार जावपाक मेळटा. वेगवेगळया बँकांनी बचत खाते आशिल्ल्या मनशाक एकाच बँकेतल्यान विमाधारक जावपाक मेळटा. बँक बचत खात्याखातीर आधार कार्ड हे मुळावे वळखपत्र आसा.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1810